मुखेल खबरो :

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जोहान्सबर्गांत जावपी जी-20 शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर आयज दक्षिण आफ्रिकेच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर वचपाक सरले भायर.

पंजाब पुलिसांनी काल सांजे लुधियानात जाल्ल्या चकमकीत पाकिस्तानी गुप्तचर संस्था आयएसआयच्या एका पाकिस्तानी आतंकवादी मॉड्यूलचो पर्दाफाश केलो.

गोंयात सुरु जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवात (इफ्फी) आयज 'इंडियन पॅनोरमा'ची सुरुवात दोन चित्रपटांच्या प्रदर्शनान जातली.

भारत आनी इस्रायलान तेल अवीवात FTA म्हळ्यार मुक्त वेपार कबलाती खातीर उलोवणी सुरू करपा संदर्भातल्या अटींचेर केली सय.

उत्तर प्रदेशांतल्या ग्रेटर नोयडात जाल्ल्या वर्ल्ड बॉक्सिंग कप फायनल्स २०२५ सर्तीत निमाण्या दिसा णव भांगरा पदकां मेळोवन भारतान आपली पदार्पण मोहीम सोंपयली.

PM - 65

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जोहान्सबर्गांत जावपी जी-20 शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर आयज दक्षिण आफ्रिकेच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर वचपाक भायर सरले. 2016 वर्सा द्विपक्षीय भेटी उपरांत आनी 2018 आनी 2023 वर्सा जाल्ल्या दोन ब्रिक्स शिखर सभे उपरांत मोदी हांची दक्षिण आफ्रिकेक ही चवथी अधिकृत

भेट आसतली. जी-20 शिखर सभे वेळार प्रधानमंत्री भारत-ब्राझील-दक्षिण आफ्रिका फुडाऱ्यांच्या बसकेकय हाजीर रावपाचे आसात. जी-20 शिखर सभेच्या फाटभुयेर मोदी संवसारीक फुडाऱ्यां कडेनय द्विपक्षीय बसका घेतले.

जी२० शिखर परिषद ही मुखेल जागतिक मुद्द्यांचेर चर्चा करपाखातीर एक संद आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगले. ते ह्या शिखर परिषदेत भारताचे वसुधैव कुटुंबकम आनी एक धर्तरी, एक कुटुंब, एक फुडार हे दृष्टिकोन मांडतले अशेंय तांणी सांगले. ही शिखर परिषद खास आसतली कारण ती आफ्रिकेत जावपी पयली जी२० शिखर परिषद आसा अशें जोहान्सबर्गाक वचच्या पयली प्रधानमंत्र्यांनी सांगले. २०२३त भारताच्या अध्यक्षपदाच्या काळात आफ्रिकन संघ जी२० चो वांगडी जाल्लो हाचो उगडासूंय तांणी हेवेळार काडलो.

लुधियाना- आयएसआय - ७०

पंजाब पुलिसांनी काल सांजे लुधियानात जाल्ल्या चकमकीत पाकिस्तानी गुप्तचर संस्था आयएसआयच्या एका पाकिस्तानी आतंकवादी मॉड्यूलचो पर्दाफाश केलो.

आमच्या खबराकारान दिल्ल्या म्हायतीप्रमाण, पुलिसांनी केल्ल्या कारवायेत ह्या मॉड्यूलचे दोन वांगडी जखमी जाले. अटक केल्ल्या दोनूंय आरोपींक तांच्या परदेशी हस्तकांनी राज्यातल्यो सरकारी इमारती आनी हेर सुवातेर ग्रेनेड हल्लो करून तणाव निर्माण करपाचे आनी शांतीकाय भंग करपाची जापसालदारकी दिल्ली अशें लुधियानाचे पुलिस आयुक्त स्वपन शर्मा हांणी सांगले.

आरोपींकडच्यान दोन चिनी बनावटीचे ग्रेनेड, पाच अत्याधुनिक पिस्तूल आनी ५० जिवित काडतुसा जप्त केल्यात.

सर्वोच्च न्यायालय- ११०

संविधानाप्रमाण, राष्ट्रपती आनी राज्यपालांच्या विधेयकांक मान्यताय दिवपाखातीर न्यायालय वेळेची मर्यादा निश्चित करूंक शक ना अशें सर्वोच्च न्यायालयान म्हळा. राज्य विधानसभांनी मंजूर केल्ल्या विधायकांचेर कारवाय करपाखातीर राष्ट्रपती आनी राज्यपालांचेर वेळ मर्यादा घालपाविशी सर्वोच्च न्यायालयान आपलो सलोल्लो जारी केलो.

संविधानाच्या कलम १४३ खाला राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सादर केल्ल्या १३ प्रस्नांच्या जापेत सरन्यायाधीश बी.आर. गवई हांच्या अध्यक्षतायेखाला घटनात्मक खंडपीठान हो सल्लो दिला. राज्य विधानसभांनी मान्यता देण्यासाठी राज्यपाल आनी राष्ट्रपतींक वेळ मर्यादा निश्चित करपाक येता?, अशें राष्ट्रपतींनी विचारील्ले.

तमिळनाडू, अस्तंत बंगाल आनी केरळ ह्या राज्यांतल्यान राष्ट्रपतींच्या संदर्भांच्या मान्यतायेविशी उपस्थित केल्ले प्राथमिक आक्षेप स्वीकारपाक सर्वोच्च न्यायालयान न्हंयकार दिलो. उपस्थित केल्ले मुद्दे संविधानिक व्यवस्थेच्या मूळाव्या आनी मूळाव्या तत्त्वांकडेब संबंधित आसात, अशें न्यायालयान म्हळा.

जयशंकर - ७०

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल अफगाणिस्तानचे वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री अलहज नूरुद्दीन अजीजी हांची नवी दिल्लीत भेट घेतली. वेपार, जोडणी आनी लोकांमदले संबंध घटमूट करपाखातीर उपाययेवजण्यांचेर

हेवेळार चर्चा केली अशें डॉ. जयशंकर हांणी एका सोशल मीडिया पोस्टात म्हळा. विदेश वेव्हार मंत्र्यांनी अफगाणिस्तानच्या लोकांच्या उदरगत आनी कल्याणाखातीर देशाच्या तेक्यांविशी परतून उलोवन दाखयले.

वाणिज्य आनी उद्देग राज्यमंत्री जितिन प्रसाद हांणीय अफगाणिस्तानच्या फुडा-यांची भेट घेतली. तांणी द्विपक्षीय वेपार आनी आर्थिक सहकार्य घटमूट करपाखातीरची वचनबद्धताय हेवेळार उक्तायली.

इफ्फी 300

राष्ट्राची गौरवशाली चित्रपट संस्कृताय तशेंच जागतीक सिनेमा प्रेक्षकांक आनी सिनेमा मोगींक दाखोवपा खातीर काल सावन 28 नोव्हेंबर मेरेन आंतरराश्ट्रीय चित्रपट महोत्सव इफ्फी सुरु जालो. आशियांतलो एक पोरनो आनी प्रतिश्ठीत चित्रपट महोत्सव म्हणून भारत आनी संवसारभरांतले चित्रपट निर्माते, कलाकार आनी चित्रपट मोगी एकठांय येतात.

कार्याव्लीत मानेसतानी आपापली सुवात घेतली.उक्तावण सुवाळ्याक म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री एल.मुरुगन, मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, केंद्रीय वीज आनी नवीकरणीय उर्जेचे राज्यमंत्री श्रीपाद नायक, म्हायती आनी प्रसारण सचीव संजय जाजू, महोत्सव संचालक शेखर कपूर, कलाकार नंदकुमारी बालकृष्ण, अनुपम खेर, मनोज जोशी आनी श्रीलीला आनी फिल्म निर्मातो राकेश ओम प्रकाश मेहरा आशील्ले. ह्या कार्यावळींत वेगवेगळ्या राज्यांतले आनी चित्रपट उद्देगांतले रंगीत फ्लोट आसात.

हे वेळार उलय्ताना माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाचे सचिव संजय जाजू हाणी इफ्फीच्या उक्तावण परेडाचें वर्णन भारताच्या सिनेमाच्या विविधतायेची परब मनवपी कार्निवाल अशें केले byte

भारत आपल्या "ऑरेंज इकोनॉमी मोमेंटांत" आसा, इफ्फी महोत्सव दीसान दीसान खाशेलेपण हाडीत आसा,बरे सिनेमाचो सामग्री, सर्जनशीलता, संस्कृती माध्यमातल्यान भारतात बऱ्या दर्जाचे सिनेमा जातात अशें माहिती आणि प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन हाणी हे वेळार म्हणले byte

गोयचे मुखेल्मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आणि मानेस्ताक आणि हेर लोकाक येवकार दिलो. गोयांक सिनेमामळावेले production hub आनी creative capital करपाची मोख दवरला अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणले byte उपरांत गोयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू उलयले. Iffi हो फकत महोत्सव न्ही जाल्यार हो महोत्सव म्हणल्यार सिनेमा विश्वातल्या मानेस्तांचे विचारांची ,संकल्पणेची आदान प्रदान करपाची माची अशे राज्यपाल पुसापती अशोक राजु हांणी म्हणला.तशेंच जागतीक मळार भारताची creativity दाखोवपी एक महत्वाची माची अशे ह्यावेळार राज्यपालान म्हणले .byte

इफ्फी- 'इंडियन पॅनोरमा' - ९०

गोंयात सुरु जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवात (इफ्फी) आयज 'इंडियन पॅनोरमा'ची सुरुवात दोन चित्रपटांच्या प्रदर्शनान जातली. राजकुमार पेरियास्वामी दिग्दर्शित तमिळ चित्रपट 'अमरण' हो चित्रपट ह्या खासा चित्रपट विभागाचो पयलो चित्रपट आसतलो, तर कमलेश के. मिश्रा दिग्दर्शित हिंदी चित्रपट 'काकोरी' हो चित्रपट नॉन-फीचर श्रेणीतलो पयलो चित्रपट आसतलो. इंडियन पॅनोरमा

विभागांत वट्ट 25 फिचर फिल्मां आनी 20 नॉन फिचर फिल्मां दाखयतले, तातूंत पांच पदार्पण फिचर आनी पुरस्कारां खातीर सर्त करपी पांच वेब मालिका आसपावीत आसात. इफ्फीचो सगळ्यांत प्रतिश्ठीत विभाग मानपी भारतीय पनोरमा भारतीय भास आनी प्रकार हांच्या विंगड विंगड प्रकारांची परब मनयतात.

FTA - १३०

भारत आनी इस्रायलान तेल अवीवात FTA म्हळ्यार मुक्त वेपार कबलाती खातीर उलोवणी सुरू करपा संदर्भातल्या अटींचेर सय केल्या. केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पियुष गोयल आनी इस्रायलचे अर्थवेवस्था आनी उद्देग मंत्री नीर बरकत हांणी संदर्भ अटींचेर सय केली. दोनूंय देशांनी द्विपक्षीय वेपार आनी गुंतवणुकीक आकार दिवपाच्या हेतान व्यापक FTA चेर चर्चा करपाक सहमती उक्तायल्या अशें हेवेळार उलयताना गोयल हांणी म्हळें. व्यापार, आर्थिक आनी धोरणात्मक भागीदारी वाडोवपाखातीर संतुलित, व्यापक आनी परस्पर फायदेशीर FTA चेर उलोवणी सुलभ करपाच्या दिकेन हे एक महत्त्वाचे पयले पावल आसा अशेंय तांणी सांगले. प्रस्तावित कबलातीक लागून बाजारपेठेत प्रवेश, भांडवल प्रवाह, गुंतवणूक आनी माल आनी सेवांमदी वेपार सुधापाखातीर संद उपलब्ध जातली अशेंय तांणी सांगले.

भारत एक शक्तिशाली देश म्हूण उदेंताक येता आनी फुडारात एक महान जागतिक शक्त जातलो अशें हेवेळार इस्रायलचे मंत्री नीर बरकत हांणी भारताबरोबर सहकार्य करपाची इत्सा उक्तायताना सांगले.

IMD - 85

भारतीय हवामान खात्यान फुडले दोन दीस अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फुडल्या तीन दिसांत केरळ, माहे, तमिळनाडू हांगाय व्हड प्रमाणांत पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या दोन दिसांत अस्तंत मध्य प्रदेशाच्या कांय वाठारांनी थंड ल्हारांचो अदमास  खात्यान केला.

वर्ल्ड बॉक्सिंग कप -

उत्तर प्रदेशांतल्या ग्रेटर नोयडात जाल्ल्या वर्ल्ड बॉक्सिंग कप फायनल्स २०२५ सर्तीत निमाण्या दिसा णव भांगरा पदकां मेळोवन भारतान आपली पदार्पण मोहीम सोंपयली.